# गोंयांत कोवीड- 19 ची स्थिती

पणजी, 09 एप्रील 2020

भलायकी सेवा संचालनालयाच्या आंकडेवारी प्रमाणें गोंयांत कोवीड-19 ची स्थिती
सकयल दिल्ले प्रमाणें आसा. 09 एप्रील 2020 दिसा होम क्वारंटायना अंतर्गत प्रवाशांची
प्रकरणां 45 आसात, जाल्यार 29 जानेवारी 2020 पासून वट्ट प्रकरणांची संख्या 1327 आसात.
तेंच प्रमाणें 09 एप्रील 2020 क क्वारंटायन सुविधा अंतर्गत संपर्कांत आयिल्ल्यांची प्रकरणां शुन्य आसात जाल्यार 29 जानेवारी 2020 वट्ट प्रकरणांची संख्या 198 आसात. 09 एप्रील 2020 क
जीएमसी (गोंय वैजकी महाविद्‍यालयांत) आयसोलेशन अंतर्गत दुबावीतांची प्रकरणां 04
आसात, तर 29 जानेवारी 2020 पासून प्रकरणांची वट्ट संख्या 133 आसा. 09 एप्रील 2020
क चांचणी खातीर धाडिल्ल्या नमुन्यांची संख्या 13 आसात, जाल्यार 29 जानेवारी 2020
पासून प्रकरणांची वट्ट संख्या 344 आसा. मेळिल्ल्या अहवालांची संख्या 09 आनी 29 जानेवारी पासून प्रकरणांची वट्ट संख्या 333 आसा. 09 एप्रील 2020 क घेतिल्ल्या नमुन्यांत पॉजिटीव्ह प्रकरणांची संख्या शुन्य आसा जाल्यार 29 जानेवारी 2020 पासून प्रकरणांची वट्ट संख्या 07 आसा.पॉजिटीव्ह प्रकरणांतल्या बरे जाल्ल्या दुयेतींची संख्या 01 आसा, जाल्यार 29 जानेवारी 2020 पासून वट्ट प्रकरणांची संख्या 01 आसा.

फूडें दिल्ले म्हायती प्रमाणें 24 नमुन्या मदले 09 रिपोर्ट नॅगेटीव्ह आयल्यात जाल्यार

15 रिपोर्ट प्रलंबीत आसात. आता मेरेन जीएमसीच्या आयसोलेशन वॉर्डींत 12 दुयेंती आसात.

मडगांवच्या ईएसआय हॉस्पिटलांत 06 पॉजिटिव्ह प्रकरणां आसात.आता मेरेन फोंडेच्या

उपजिल्लो हॉस्पिटलांत दुबावीत आयसोलेटेडांचो आंकडो 01 आसा. तेंच प्रमाणें ओल्ड गोवा

रेसिडेन्सीन आता मेरेन संपर्कांत आयिल्ल्या 03 जाणांक क्वारंटायन केल्यात आनी आता मेरेन संपर्कांत आयिल्ल्या 05 जाणांक मडगांव रेसिडेन्सीन क्वारंटायन केल्यात.

DI/NB/PN/DSK/NSS/2020/1823

--
DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA